**न्हंयच्या देगेक आनी लागीच्या जमनीचेर विकास प्रकल्पां खातीर कॅप्टन ऑफ पोर्ट्स खात्याची परवानगी आवश्यक**

ता. 9 मार्च 2026

राज्यांतल्या न्हंयच्या देगेक, लागीच्या जमनीचेर, न्हंय आनी बंदरांतल्या उदका वाठारांनी खंयच्याय विकास प्रकल्पां खातीर कॅप्टन ऑफ पोर्ट्स खात्याची परवानगी घेवप आवश्यक आसा, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्ट्स खात्यान संबंदीत यंत्रणांक कळीत केला. खात्याची परवानगी घेतले बगर अशां वाठारांनी कसलीच विकास कामां करची न्हय आनी ह्या आदेशाचे उल्लंघन केल्यार खर कायदेशीर कारवाय जातली.

न्हंयच्या देगेची जमीन आनी उदका वाठार "बंदर मर्यादा" म्हणून अधिसूचित केल्ली आसून लेगीत खात्याची परवानगी घेनासतना अनेक विकास कामां करतात, अशें खात्याच्या नदरेक आयला. ते खातीर सरकारी खात्यांसयत सगळ्या संबंदीतांक कळोवपात येता की गोंय सरकारचे बंदर खाते हे गोंय राज्यांतल्या न्हंय आनी बंदर वाठारांनी चलपी बेकायदेशीर कामांचेर लक्ष दवरपाक नियुक्त प्राधिकरण आसा आनी अशां वाठारांनी जावपी विकासाखातीर आवश्यक कायद्यांनुसार बंदर खात्याची पूर्व परवानगी घेवप अनिवार्य आसा.

न्हंयची देग आनी बंदराच्या हद्दीसावन 5 नॉटिकल मैलांमेरेन खारजां, न्हंयों आनी हेर उदका येरादारी वाठारांनी जातूंत मांडवी, म्हापसा, नार्वे (कुंभारजुवा कालव्यासयत), तेरेखोल, शापोरा, साळ, तळपण, गालजीबाग, आनी जुवारी न्हंय वाठारांचो आस्पाव आसा. खांबे, जेटी, घाट, बंदर रॅम्प, मूरिंग्ज आनी हेर कामांचो लेगीत हातूंत आस्पाव आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/150

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.